## प्रादेशिक खबरो 29.१२.२०२५ @ 7.२५ AM

**राष्ट्रपती 50**

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी कारवारा नौदळाच्या तळाचेर भारतीय नौदळाच्या कलवरी बनावटीच्या आयएनएस वग्शीर पाणबुडीतल्यान नौदळाचे मुखेली अॅडमीरल दिनेश त्रिपाटी हांचे सयत सफर केली.हाचे पयली आदले राष्ट्रपती एपीजे अब्दुल कलाम हांणी नौदळ तळाचेर पाणबुडीतल्यान सफर केल्ली. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मु हांचे शनवारा गोंयांत आगमन जाले. आयतारा सकाळी आयएनएस हंसा तळाचेर तानी नौदळाच्या जवानां कडल्यान मानवंदना स्वीकारली .

**रश्मि 100**

गोंयच्या रापणकाराची संस्कृताय लागच्यान जाणुन घेवपाक रापणकारांचो सी- फुड फेस्टीव्हल गोय पर्यटन खात्याच्या जोडपालवान आयोजित केला. फाटल्या सेगीत तीन वर्सासावंन ह्या महोत्सवाचे आयोजन जाता. ह्या महोत्सवा वेलार ख्रिसमस फीएस्टाचे आयोजन केला. गावंची उदरगत करतना , तरणाट्यांक मनरिजवण आयोजित करपाच्य हेतान ह्या महोत्सवाचे आयोजन केला अशी म्हायती ह्यावेळार जीत आरोलकार हांणी महोत्सवाचे उक्तावण केल्या उपरातं दिल्या. पारंपरीक पध्दतीन नुसेतमारी करतना रापण ओडटात तशी रापण ओडुन ह्या महोत्सवाचे उक्तावण जाले. ह्या वेळार पर्यटन खात्याचे संचालक केदार नायक, तशेच पर्यटन खात्याचे अधिकारी हाजीर आशिल्ले.जाल्यार हरमल वाठारात येवपी पर्यटकांनी लेगीत ह्या महोत्सवात व्हडा आकड्यान हाजेरी लायिल्ली.27-29 ह्या काळात हो महोत्सव हरमला पार्कींग वाठारात आयोजित केला.

**रश्मि/गणेश 80**

उत्तर गोंय जिल्हो पंचायतीच्या अध्यक्षपदार रेश्मा बांदोडकार जाल्यार दक्षीण गोंय अध्यक्षपदा खातीर सिद्धार्थ गावस देसाय हांचे नाव भारतीय जनता पक्षान निश्चीत केलां. प्रदेश भाजप अध्यक्ष दामू नायक हांणी बसके उपरांत ही म्हायती दिली.उत्तर

गोंय जिल्हो पंचायत उपाध्यक्षपदार नामदेव च्यारी जाल्यार दक्षीण गोंय उपाध्यक्ष पदाखातीर अंजली वेळीप हांची नावा निश्चीत जाल्या. दोनूय जिल्हा पंचायतींचेर भाजपाक भोवमत मेळील्ल्यान अध्यक्षपदार भाजप वांगड्यांची नेमणूक जातली. पक्षान वेंचून आयिल्ल्या जिल्हा पंचायत वांगड्यांची बसका घेवन अध्यक्ष आनी उपाध्यक्ष पदा खातीरची नावा जाहीर केली. उत्तर गोंयचे अध्यक्षपद जाल्यार दक्षीण गोंयचे उपाध्यक्षपद बायलां खातीर राखीव आसा.

**रश्मि 80**

चेन्नय - मदुराय हांगा अपघातान मरण पाविल्लया 19 वर्सां पिरायेच्या मनशाचे काळीज गोयच्या पेडणे कासरवर्णे उमेश वरक हांका दान केल्या उपरांत उमेश वरक हांका आता परत नवो जल्म मेळ्ळा. मदुरायच्यान हे काळीज रस्तया मारग्यान हाडपाक ८ वरा लागतली अशे कळतकच मांद्रेचे आमदार जीत आरोलकार हांणी हेलिकॉप्टर व्यवस्थेक लागपी मजत करुन हे एअर लिफ्टच्या माध्यमातल्यान काळीज २ वरा भितर गोयांतं हाडपाची तजवीज केलि .हाडल्या उपरांत शस्त्रक्रीयेवरवी काळीज प्रत्यारोपण करपाची शस्त्रक्रिया जाली. उमेश वरक हो उजो पालवपी दळाचो जवान म्हण काम करता.

AISPLB 90

ऑल इंडिया शिया पर्सनल लॉ बोर्ड (AISPLB) न बांगलादेशातल्या हिंदू अल्पसंख्याकांचेर केल्या अत्याचारांचो निषेध केल. ताणी म्हणला की, इस्लाम खंयच्याय निष्पाप व्यक्तीची हत्या करपाक मनाय करता आणि धर्माच्या नावाखाला अशे करप्यांनी ते टाळचे. लखनौमधल्या बारा इमामबाडा हांगा जाल्या AISPLB च्या वार्षिक अधिवेशनात हो निषेध केलो. या परिषदेत भारतातल्या वेगवेगळ्या राज्यांसयत बांगलादेश आणि नेपाळमधले उलेमा आणि मुस्लिम विद्वान उपस्थित आशिल्ले. AISPLB चे सरचिटणीस मौलाना यासूब अब्बास हाणी म्हणले की, जगभरात जावपी प्रत्येक दहशतवादाची कृती अत्यंत निषेध पुर्ण आसा आणि जे दहशतवाद घडयतात, वा दहशतवाद्यांक आश्रय दितात वा तांका कसल्याय प्रकारची मदत करतात ते मानवतेचे दुस्मान आसात.

**गणेश 60**

 मतदार वळेरी पडताळणी (एसआयआर) मोहीमे विशी वेंचणूक आयोगाकडेन राजकी पक्षां कडल्यान वट्ट 2821 हरकती आयल्या. हांतूत 1574 हरकती भारतीय जनता पक्षाच्या बीएलएमार्फत आयल्या. काँग्रेसी कडल्यान 1035 हरकती, गोवा फॉरवर्डा कडल्यान 42 जाल्यार आरजी कडल्यान 170 हरकती आयल्या. हेर राज्यां सयत गोंयांत एसआयआर मोहीम 4 नोव्हेंबर सावन सुरू जाली. मतदारांनी अर्ज सादर केल्या उपरांत मतदार मसूदा वळेरी तयार जाल्या. आता हरकती सादर करपाचो पांवडो सुरू आसा.

**परीक्षा पे चर्चा 100**

परीक्षा पे चर्चा ह्या प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या कार्यावळीच्या ९ वी आवृत्तीत विद्यार्थी, शिक्षक आनी पालकांनी व्हडा संख्येन वांटेकार जावंचे अशें आवाहन गोवा SCERT न केलां.  परीक्षा पे चर्चा 2026 कार्यावळी खातीर ऑनलायन नोंदणी, 1 डिसेंबर 2025 सावन सरकारी अधिकृत पीपीसी पोर्टल innovateindia1.mygov.in चेर सुरू आसा. 6 वी ते 12 वी मेरेन शिकपी विद्यार्थ्यांक, शिक्षक आनी पालकक ह्या कार्यावळींत वांटेकार जावं येता. शिक्षकां खातीर नोंदणी करप सक्तीचें आसा. परीक्षेचो ताण उणो करपाचे दिकेन प्रधानमंत्री नरेंद मोदी हांच्या ह्या म्हत्वाच्या कार्यावळीचो प्रचार आनी प्रसार करपा खातीर शाळांनी हेर अभिनव उपाय आपणावचे अशें GSCERT न सुचयलां. ह्या सर्तीखातीर तारीख 11 जानेवारी 2026. मेरेन नोंदणी करूं येता.

**स्पोर्ट्स 30**

**बायलांच्या क्रिकेटांत तिरुवनंतपुरमांत जाल्ल्या चवथ्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारतान श्रीलंकेक 30 धांवड्यांनी हारयले  आनी पांच मॅचींच्या मालिकेंत भारतान 4-0 अशी आघाडी घेतली. 222 धांवड्यांच्या लक्ष्या गाठताना  श्रीलंकेन षटकांत स गडे वगडावन  191 धांवड्यो केल्यो.**

वेदर 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३२.७ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान १८.9 डिग्री सेल्सिअस नोंद  जाला. राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले. हलके ते मध्यम प्रमाणात धुके पातळू येता